# भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# दावीद गोठाणी चलो



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Lazarus
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Ruth Klassen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2024 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



बऱ्याच आदीं इज्रायलाचो राजा सावलाच्या काळार, दावीद नांवाच्या एका भुरग्यान आपल्या सात भावांक, तांच्या बापायच्या कळपांक सांबाळपाक आदार केलो. तो धाकटो आसलो तरी दावीद एक बळिश्ट, धाडसी भुरगो आसलो, जो देवाचो मोग करतालो आनी ताचेर विस्वास दवरतालो. तो बेथलेहेम शारांत रावतालो.



एकदां एक शींव जेवणा खातीर मेंद्रा काडून घेवपाक कळपाचेर हल्लो केलो. तरणाटो दावीद हाणें हल्लो करप्याचेर हल्लो केलो. मेंद्रयाक पयस ओडून ताणें त्या खरखरीत जनावराक ताचे खाडयेक धरून मारलो. देवान ताका आदार केला हें दावीदाक खबर आशिल्लें.



3

सामुयेल, देवाचो संदेष्टो, अजूनय दुख्खी आशिल्लो कारण राजा सावल देवाक इतलो वायट अपेस करतालो. "तुमी कितलो तेंप सावलाचो शोक करतले?" देवान सामुयेलाक धिटाय दिली. "हांव तुका जेसी कडेन धाडटां ... कारण ताच्या पुतां मदीं हांवें स्वताक राजा सोदला." जेसी दावीदाचो बापूय.



4

सामुयेलाक कळळें तरी राजा सावल ताका आनीक राजा सोदपाक गेल्ल्यान मारूंक शकता, तरी संदेष्ट्यान देवाचें आदन्या पाळळी.



5



सामुयेल पावलो तेन्ना जेसीन आपल्या सात पुतांक सामुयेला मुखार वचपाक लायले. आनी सामुयेलान जेसेक म्हणलें, "देवान तांकां वेंचून काडूंक नात." ताका लागून फकत दावीद, सगळ्यांत धाकटोच उरलो. तो मेंढरां वांगडा भायर आशिल्लो. तांणी दावीदाक भितर हाडलो आनी सर्वेस्परान म्हणलें: "उठ, ताका अभिषेक कर, कित्याक तोच तो."

6

सावलाच्या राजवाड्यांत, सर्वेस्पराचो आत्मो सावला थावन गेलो आनी तो एक बरोच त्रासांत पडलो. ताच्या नोकरांक दिसलें, बरें संगीत सावलाचें मन स्थीर करूंक शकता. तातूंतलो एकलो एका तरणाट्याक वळखतालो, जो वीणा बरो वाजयतालो. तो तरणाटो कोण आशिल्लो असो अदमास काडूं येता? हय, दावीद.



7

दावीदाच्या संगीतान सावलाक शांत केलो आनी ताका सरळ विचार करूंक आदार केलो. सावलान जेसीक दावीदाक राजाचे सेवेंत रावपाक दिवंक सांगलें. जेन्ना जेन्ना सावलाक उदासीनतायेचो वा भंयचो आक्रमण जातालो तेन्ना दावीद ताचे खातीर वीणा वाजयतालो. ताका आदार जातालो.



8


दावीद घरा गेले उपरांत सावलाक फिलिस्तीनां कडेन व्हड झूज जालें. दावीदाचे भाव सावलाच्या सैन्यांत झुजले. जेसीन दावीदाक आपल्या भावांक जेवण व्हरपाक आनी ते कशे आसात तें जाणून घेवपाक झुजाच्या मोर्चा कडेन धाडलो.
9
गोलियत ह्या व्हडल्या फिलीस्तीन राक्षसान सगळ्या इज्रायल सैनिकांक भिवयल्ले.
10
“तुमच्या खातीर एक मनीस वेंचून काडात आनी ताका म्हजे कडेन सकयल धाड!” गोलियाथान मोठ्यान म्हणलें. “तो म्हजे कडेन झगडून म्हाका मारपाक शकलो जाल्यार आमी तुमचे नोकर जातले. पूण हांवे ताका मारलो जाल्यार तुमी आमचे नोकर जावन आमची सेवा करतले.” इज्रायलांतले सगळे मनीस त्या राक्षसाक पळोवन ताचे कडल्यान पळून गेले आनी भिरांकूळ भियेले.
11
तेन्ना दावीदान सावलाक म्हळें: “ताका लागून कोणाचें काळीज दुबळें जावंचें न्हय; तुजो नोकर ह्या पलिस्तीना कडेन वचून झुजतलो.” दावीदान शस्त्रां घालची आनी तलवार व्हरची अशें सावलाक दिसतालें. ताचे बदला दावीदान आपली गोफणी घेवन व्हाळांतल्यान पांच गुळगुळीत फातर काडले.
12
तरणाटो दावीद कवच लेगीत घालना हें पळोवन गोलियत हांसलो. “तुजें मांस हांव हवेंतल्या सुकण्यांक आनी शेतांतल्या जनावरांक दितलों!” ताणें गर्जना केली. “हांव तुजे कडेन सर्वेस्पराच्या नांवान येतां!” दावीदान जाप दिली. “आयज सर्वेस्पर तुका म्हज्या हातांत दितलो ... कारण झूज सर्वेस्पराचें!”
13
मागीर दावीद सरळ गोलियथा कडेन धांवलो. धांवताना ताणें आपल्या गोफणीतल्यान एक फातर – गोलियताच्या कपलाक मारलो. गोलियत पडलो!
14

दावीदान बेगीन गोलियताची व्हडली तलवार काडली आनी ताची तकली कापली. फिलिस्तीनांनी गोलियताक मेल्लो पळेलो तेन्ना ते आपल्या जिवा खातीर धांवले.



15

राजा सावलाक याद जाली ना की होच दावीद, जांणी ताका वीणान शांत केल्लो. ताणें दावीदाक आपल्या सैन्याचो मुखेली केलो – मागीर लोकांनी दावीदाच्या जैतांक मान दिलो तेन्ना ताका दुस्वास जालो. “आनीक कितें? आतां ताका राज्य मेळटलें.” सावलान विचार केलो. देखून त्या दिसा सावन सावलान दाविदाचेर नदर दवरली.



16

परत राजा सावलाचें मन त्रासांत पडलें. देखून दावीदान ताका शांत करपाचो यतन करपाक संगीत वाजयलें. तीन पावटीं सावलान दावीदाचेर भालो उडयलो. पूण दावीद दर खेपे पळून गेलो.

सावल दावीदाक भियेलो, कित्याक ताका खबर आशिल्लें की सर्वेस्पर ताचे वांगडा आसा, पूण तो सावला कडल्यान पयस गेलो.



17

पूण सावलाचो पूत जोनाथन दावीदाचो सारको मोग करतालो. “म्हजो बापूय सावल तुका मारपाक सोदता” अशें ताणें दावीदाक शिटकावणी दिली. देखून दावीद पळून गेलो. ताचे बायलेन ताच्या खाटीर एक बावली घाली, आनी मध्यान रातीं दावीदाक जनेला वयल्यान सकयल देंवयलो. सकाळीं सावलाचे मनीस आयले तेन्ना दावीद गेलो.



18

दावीदाक सावला थावन पयस पळून वचचें पडलें. वचचें आदीं ताणें आनी जोनातान एकठांय एक करार केलो. तांणी सदांच एकामेकांक मजत करतले अशें उतर दिलें. दुख्खान दोगांय इश्टांनी निरोप दिलो. दावीद एक सुवात सोदपाक भायर सरलो, जंय सावलाच्या सैनिकांक तो मेळटलो म्हळें भंय ना.



19

दावीद गोठाणी चलो

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

१ सामुयेल १६-२०

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

20




19 60



हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16

27

28

29

30

31

32